# युवकांच्या उन्नतीखातीर सरकार कटीबद्द- मुख्यमंत्री

ता. 10 नोव्हेंबर 2021

राज्य सरकार युवा समाजाच्या उन्नतीखातीर अथक प्रयत्न करीत आसून राज्यातल्या तरणाट्यांच्या सर्वांगीण विकासाक पूरक अशों अनेक येवजणो सरकारान सुरू केल्ल्याचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज सांगलें.

मुख्यमंत्री आयज गोंय राज्य विधिमंडळान एमआयटी स्कूल ऑफ गव्हर्नमेंट, पुणे हांच्या जोड पालवान डॉ. श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडियम, ताळगांव पणजी हांगा आयोजीत राष्ट्रीय युवा संसदेच्या उक्तावण कार्यक्रमाक उलयताले.

फुडें उलयताना मुख्यमंत्री डॉ.सावंत हांणी सांगलें, सरकारान तांत्रिक शिक्षणाचो दर्जो वाडोवपाचेर भर दिल्लो आसा. फुडारांत रोजगार निर्मितीखातीर सरकारान शाळा आनी म्हाविद्यालयांनी वेगवेगळे अभ्यासक्रम सुरू केल्ले आसा. विद्यार्थ्यांक NEET, IIT आनी हेर परीक्षांखातीर तयार करपा खातीर कोचिंग वर्गय सुरू केल्ले आसात. सरकार युवकांच्या उन्नतीखातीर पुराय कटिबद्द आसा आनी त्याखातीर पदवी आनी पदव्युत्तर पांवड्यार वेगवेगळे मास्टर कोर्सीस आनी तरणाट्यां उद्देजकांखातीर स्टार्ट अप येवजण सुरू केल्या, अशेंय तांणी सांगलें.

मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी राज्यातल्या युवकांक राज्याच्या सामाजीक आनी आर्थिक विकासाखातीर सरकारच्या प्रयत्नांक सहकार्य करपाचोय उलो मारलो.

उपमुख्यमंत्री श्री. मनोहर आजगावकर हांणी खेळा आनि युवा वेव्हार खात्यान सुरू केल्ल्या विंगड विंगड येवजणांची म्हायती दिली. राष्ट्रीय युवा संसद मोठ्या प्रमाणात आयोजीत केल्लेखातीर तांणी आयोजकांच्या प्रयत्नांचीय तोखणाय केली.

एमआयटी शाळेचे संस्थापक श्री. राहुल कराड हांणी तरणाट्यांक लोकशाय आनी राष्ट्र उभारणीचेर आपले विचार मांडपाक व्यासपीठ उपलब्ध करून दिवप हो हे राष्ट्रीय युवा संसदेचे उद्दिश्ट आशिल्ल्याचे सांगलें.

सुरवातीक गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. राजेश पाटणेकर हांणी येवकाराचे उलवप  केले.

ताचे पयली मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं  खेळ आनी कृशी मळार उत्कृश्ट कामगिरी केल्ले खेळगडें आनी युवा शेतकऱ्यांचो सत्कार केलो.

हालीच ग्लासगो, स्कॉटलंड हांगा जाल्ल्या COP-26 हवामान परिशदेत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी  ग्लोबल वॉर्मिंग आनी हवामान बदलाच्या समस्येक तोंड दिवपाखातीर पाच प्रस्ताव "पंचामृत"  मांडले,  ते खातीर ह्या वेळार प्रधानमंत्र्यांचे अभिनंदन करपी थाराव मांडलो. विज्ञान भारतीचे राष्ट्रीय संघटन सचीव श्री. जयंत सहस्रबुद्दे हांणी प्रधानमंत्र्यांचे  अभिनंदन केले.

नामनेचे अभिनेते श्री. शरद पोंक्षे,
फुडारी श्रीमती. नुपूर शर्मा, खासदार श्रीमती. सुनीता दुग्गल आऩी हेर मानेस्त ह्या वेळार हाजीर आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/934

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji